Akashvani Panaji Regional news 7.25 am 12 july 2025

पर्यटन मळावेल्या जाळवणदारांनी सुरक्षितताय तशेंच आधुनिकतेकडे सागंड घालपाच्या हेतान तंत्रगिन्यान आपणावप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते पणजे एका शासकीय कार्यावळीदरम्यान उलयताले. आताचे जग डिजीटलायजेशनाचे जाला, ताका लागुन वेगवेगळ्या एपाच्या माध्यामातल्यान कामा सोपी आनी पारदर्शक पध्दतीन जांवक शकता अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला. हालीच एका पर्यटक टॅक्सी वेवसायिकाक सतोवणुक करुन मारपेट करप तशेंच तांटी टॅक्सी पळोवपाच्य घडणुकीचे प्रकरण लक्षात घेतना टॅक्सी वेवसायिकांखातीर लेगीत टॅक्सी एप सुरक्षिततायेच्य नदरेतल्यान महत्वाचे थारता अशें मुखेलमंत्र्यानी म्हणला. byte

---

40 वर्सा पोरण्या बिल्डीगेंतली सरकारी कार्यालया फुडल्या दोन वर्साभितर नव्या सुवातीत स्थलांतरीत करतले, तशेंच तालुका पावंड्यावेल्या न्यायालयांचे नुतनीकरणाचे काम लेगीत सुरु जाला, न्यायालयांक बरी साधन सुविदा दिंवन न्यावेवस्थेच घटमुट करप, तशेचं गुन्ह्यावकाराआड खर कारवाय करुन न्यायाखातीर दाद मागपी नागरीकांक तो मेळोवन दिवपाक सरकार कटीबध्द आसा अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते अभियोक्ता संचालनालयाच्याचे पाटो पणजी bsnl बिल्डीगेंत स्थलांतरीत कार्यालयाच्या उक्तावण सुवाळ्यावेळार उलयताले. ह्यावेळार कामकाजाखातीर लागपी लॅपटॉप मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी दिले. byte

---

रायबंदर मार्गाचेर 14 जुलय सावन रो रो फेरी सुरू जातली. आयज न्हंय येरादारी मंत्री सुभाष फळदेसाय फेरयेची पळोवणी करतले. फेरयेची चांचणी येसस्वी जाल्या अशी म्हायती मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी दिली.रायबंदर - चोडण मार्गाचेर 6 फेरीबोटी येरादारी करतात. सकाळी आनी सांजे फेरीबोटीत बरीच गर्दी जाता. गर्दी उणी करपा खातीर या मार्गाचेर रो रो फेरीबोटी सुरू करपाचो निर्णय जाले. रो रो फेरीबोट हाडून ताची चाचणी लेगीत येशस्वी जाल्या.रो रो फेरयेतल्यान चड दुचाक्यो तशेच चड गाडयो येतल्यो. रो रो फेरीबोटीत 15 कारी रावतात. तशेच प्रवाशांक बसपाक लेगीत बाकडे आसतात. ही फेरीबोट सुरू जाले उपरांत चोडण, मयें, रायबंदर तशेच दिवचलच्या लोकांक मोठे प्रमाणात थाकाय मेळटली.

---

---

राश्ट्रीय आयकर लवाद २०२५ परीशद गोंयात १२ आनी १३ जुलैयांक पणजे मेरीयट हॉटेलात जातली. लवादाच्या ८४ व्या संस्थापक दिसा ह्या परीशदेचे आयोजन केला. जाल्यार परीशदेक देशभरातले आयकर मानेस्त आनी प्रतिनिधी वाटो घेतलो अशी म्हायती लवादाचे निवृत्त न्यायधीश सी. व्ही भंडंग, आनी दिल्ली क्षेत्राचे उपाध्यक्ष महाविर सिंग हांणी पणजेत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या.

---

पणजी  वेधशाळेच्या म्हणण्या प्रमाण आयज गोयांत छाडन्ट चाड तापमान ३१ अंश सिलसिस आसतालो जाल्यार उण्यात उनो तापमान २५ अंश सिलसिस आसतलो . राज्यांत आयज हलको पावस पदपाची शक्यताय आसा.

---

क्रिकेटांत आयज लंडनांतल्या लॉर्ड्सांत जावपी अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीच्या तिसऱ्या कस लावपी क्रिकेटात इंग्लंड आनी भारत हांचे मदी खेळ जातलो. भारतीय मानक वेळा प्रमाण दनपारां 3:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.